**<u>ऑगस्ट म्हयन्याचो रेशन कोटा</u>**

ता. 20 जुलय 2020

ऑगस्ट-2020 म्हयन्यात गणेश चतुर्थीच्या निमतान अंत्योदय अन्न येवजण रेशन कार्डधारकांक 3 रूपया दरान 35 किलो तांदुळ दितले. अंत्योदय अन्न येवजणेच्या प्रधानमंत्री गरीब कल्याण अन्न येवजणे खाला लावधारका फाटल्यान 5 किलो तांदुळ फुकट दितले. अन्नपुर्णा कार्डधारकांक 10 किलो तांदुळ फुकट दितले. कल्याणकारी संस्थां येवजण कार्डधारकांक तांदुळ 6.15 रूपया दरान आनी गंव 4.80 रूपया दरान वितरीत करतले. प्राधान्यक्रम कुटुंबांक 3 रूपया दरान लावधारका फाटल्यान 5 किलो तांदुळ दितले. प्राधान्यक्रम कुटुंब येवजणेच्या प्रधानमंत्री गरीब कल्याण अन्न येवजणे खाला लावधारका फाटल्यान 5 किलो तांदुळ फुकट दितले. एपीएल कार्डधारकांक 12.50 रूपया दरान 10 किलो तांदुळ आनी 10 रूपया दरान 6 किलो गंव दितले.

सवाय धान्य दुकानदारांनी 31 जुलय 2020 मेरेन आपलो धान्य कोटा उचलून कार्डधारकांक वितरीत करचो. धान्य कोटा उचलपाक मुजत वाड मेळची ना.

रेशन कार्डधारकांनी आपलो रेशन कोटा संबंदीत सवाय धान्य दुकानातल्यान व्हरपाक जाय. धान्याविशीं कसलीय कागाळ आसल्यार रेशन कार्डधारकांनी संबंदीत मामलेदार वा नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्याकडेन करची.

म्हा /सप/ ऑपे / विगां/ 2020/397

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA